05.032026 सकाळी ८.४० वरां

प्रादेशिक खबरा विभाग - राष्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी फिनलँडचे राष्ट्राध्यक्ष अलेक्झांडर स्टब आयज वेगवेगळ्या मळार द्विपक्षीय सहकार घटमूट करपा विशीं चर्चा करतले.
- छत्तीसगडांतल्या दोन जाग्यां सयत 10 राज्यांतल्या 37 राज्यसभा सुवातांखातीर उमेदवारी दाखल करपाची प्रक्रिया आयज बंद जातली.
- नवी संसद वेंचपा खातीर आयज नेपाळांत वेंचणुक जातली.
- भारतांतली मुखेल भूराजनीतीक आनी भूअर्थशास्त्रीय परिशद रायसीना संवादाची इकरावी आवृत्ती आयज नवी दिल्लींत सुरू जाता.
- अस्तंत आशियांतल्या सध्याच्या तणावाच्या परिस्थितींत वाडत वचपी मागणीक जाप दितना एअर इंडियान टोरोंटो, फ्रँकफर्ट आनी पॅरिसात खाशेली विमान सेवा सुरू करपाची घोशणा केल्या.
- अस्तंत आशिया आनी आखात वाठारांतली सध्याची परिस्थिती पळोवन विदेश वेव्हार मंत्रालयान नियंत्रण कक्ष स्थापन केला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी फिनलँडचे राष्ट्राध्यक्ष अलेक्झांडर स्टब आयज वेगवेगळ्या मळार द्विपक्षीय सहकार घटमूट करपा विशीं चर्चा करतले. बहुपक्षीय मंचाचेर सहकार्या सयत परस्पर हितसंबंद आशिल्ल्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर तांचे विचार आदान-प्रदान करतले. हे उलोवपा उपरांत जायत्या कबलातींचेर सयो करतले. प्रधानमंत्री मोदी राष्ट्राध्यक्ष स्टबा हांच्या सन्मानार्थ जेवणाचे आयोजन करतले. श्री स्टब काल भारताच्या चार दिसांच्या भोंवडेर नवी दिल्ली पावले. तांकां विदेश वेव्हार राज्यमंत्री कीर्ति वर्धन सिंग हाणी येवकार दिलो. राष्ट्राध्यक्ष स्टब हांका विमानतळार विधीपुर्वक येवकार दिलो. हे खेपे पदभार साबाळ्या उपरांत राष्ट्राध्यक्ष स्टब हांची ही पयली भारत भेट. ते आयज राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांका भेट दितले. उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आनी विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. जयशंकर तांची भेट घेतले. आज सांजवेळार राषट्रीय

राजधानींत जावपी इकराव्या रायसीना संवाद २०२६आचे मुखेल सोयरे आनी मुखेल उलोवपी राष्ट्राध्यक्ष स्टब आसतले. भारत आनी फिनलँड हांचेमदीं लोकशाय मुल्यांचेर आदारिल्ले इश्टागत आनी बहुआयामी संबंद आसात. युरोपीय संघ आनी नॉर्डिक वाठारांत फिनलँड हो भारताचो मोलादीक भागीदार आसा.

छत्तीसगडांतल्या दोन जाग्यां सयत 10 राज्यांतल्या 37 राज्यसभा सुवातांखातीर उमेदवारी दाखल करपाची प्रक्रिया आयज बंद जातली. फाल्यां अर्जांची छाननी जातली. उमेदवारांक 9 मार्च मेरेन उमेदवारी फाटीं घेवंक मेळटली. ह्या सुवातांखातीर मतदान 16 मार्चाक जातलें आनी त्याच दिसा निकाल जाहीर जातलो.

नवी संसद वेंचपा खातीर आयज नेपाळांत वेंचणुक जातली. फाटल्या सप्टेंबरांत तरणाट्यांच्या फुडारपणा खाला जाल्ल्या निशेधात 77 जाणांक मरण आयिल्ल्यान सरकाराक राजिनामो दिवचो पडलो. त्या घडणुके उपरांत ही पयली वेंचणूक. नेपाळांतल्या 3 कोटी लोकां मदले सुमार 1.9 कोटी लोक 275 वांगड्याचें प्रतिनिधी सभाघर वेंचपा खातीर मतदान करपाक पात्र आसात, तातूंतले 165 उमेदवार  थेट वेंचून येतात आनी 110 प्रमाणबध्द प्रतिनिधीत्वांतल्यान वेंचून काडटात. ह्या मतदारांतले सुमार दशलक्ष मतदार - चडशे तरणाटे - फाटल्या वर्साच्या निशेधा उपरांत जोडले.

भारतांतली मुखेल भूराजनीतीक आनी भूअर्थशास्त्रीय परिशद रायसीना संवादाची इकरावी आवृत्ती आयज नवी दिल्लींत सुरू जाता. तीन दिसांच्या हे परिशदेंत जागतीक फुडारी, धोरण निर्माते आनी तज्ञ एकठांय येवन आंतरराष्ट्रीय प्रस्नांचेर आनी रणनिती सहकार्याचेर विचार करतले. 2026 वर्साचो विशय "संस्कार - अभिकथन, सामंजस्य,  उदरगत" असो आसा जो सध्याच्या जागतीक दृश्य प्रतिबिंबीत करता. ऑब्जर्व्हर रिसर्च फावंडेशन हे संस्थेन विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या सहकार्यान हें आयोजन केलां. 2016 वर्सा स्थापन जाल्लो हो वर्सुकी संवाद आंतरराष्ट्रीय वेव्हारांचेर चर्चा करपा खातीर भारताचो मुखेल मंच म्हूण उदेला. हे परिशदेंत वर्सासावन बदलपी भूराजनीतीक गतीशीलता, हवामानाची काळजी, तंत्रीक बदल, अर्थीक लवचीकपण, संवसारीक शासनाचे फुडार ह्या विशयांचेर व्यापक चर्चा जाल्या. हे परिशदेंत कितलेशेच विदेशी मानेस्त वांटो घेवपाचे आसात. भूतानाचे विदेश वेव्हार मंत्री ल्योंपो दीनानाथ धुंगयेल काल भारतांत पावले. राज्य भेटीचेर आशिल्ले फिनलँडचे राष्ट्राध्यक्ष अलेक्झांडर स्टब मुखेल सोयरे आनी मुखेल वक्ते म्हूण रायसीना संवादांत वांटो घेतले. अमेरिकेचें प्रतिनिधित्व उप विदेश मंत्री क्रिस्टोफर लैंडौ करतले, जे संवादांत अमेरिकेच्या शिश्टमंडळाचें फुडारपण करतले. हेर मुखेल भाग घेवप्यां मदीं सेशेल्सचे विदेश वेव्हार आनी डायस्पोरा

वेव्हार मंत्री बॅरी फॉरे; मॉरिशसाचे विदेश वेव्हार, प्रादेशिक एकात्मता आनी आंतरराश्ट्रीय वेपार मंत्री धनंजय रामफुल; आनी श्रीलंकेची विदेश वेव्हार, परदेशी रोजगार आनी पर्यटन मंत्री विजिता हेरथ हाँचो आसपाव आसा.

अस्तंत आशियांतल्या सध्याच्या तणावाच्या परिस्थितींत वाडत वचपी मागणीक जाप दितना एअर इंडियान टोरोंटो, फ्रॅंकफर्ट आनी पॅरिस (शार्ल्स द गॉल) हांगा खाशेली विमान सेवा सुरू करपाची घोशणा केल्या. सोशल मिडिया पोस्टांत एअर इंडियान आयज सावन ह्या म्हयन्याचे 11 मेरेन दिल्ली आनी टोरोंटो हांचे मदीं आनीक 3 विमान सेवा सुरू करतले अशी म्हायती दिल्या. दिल्ली आनी फ्रॅंकफर्ट हांचे मदीं तीन विमान सेवा आनी 7 ते 10 तारखे मेरेन दिल्ली आनी पॅरिस हांचे मदीं एक विमान सेवा जोडिल्ल्याचोय उल्लेख विमान कंपनीन केला. ह्या अतिरिक्त सेवांवरवी ह्या वेंचून काडिल्ल्या मार्गांचेर प्रवाशांक भारतांत परत येवपाक पर्याय मेळटले आनी दिल्ली सोडून भारतांतल्या हेर राज्यानी तशेच आग्नेय आशियांतल्या हेर सुवातानी वचपाक सोयीस्कर जोडणी मेळटली असो उल्लेख एअर इंडियान केला. मजगतीं, युएईंतल्या रास अल खैमा सावन शेनवारा मेरेन दिल्ली, कोच्ची आनी मुंबय हांकां जोडपी खाशेली विमान सेवा एअर इंडिया एक्सप्रेसावरवी सुरू करतले. एअर इंडिया एक्सप्रेसान सोशल मिडियाचेर आयज, मस्कट आनी दिल्ली हांचे मदीं आनी मस्कट आनी मुंबय हांचे मदीं खाशेली विमान सेवा चालू दवरतले अशेंय सांगलां. प्रवाशांक ताणी तांची उड्डाणाची स्थिती तपासची आनी तांचे संपर्क तपशील तांच्या प्रवाशांच्या नांव नोंदींत (पीएनआर) अद्ययावत केल्यात हाची खात्री करपाचो सल्लो एअर इंडियान दिला.

अस्तंत आशिया आनी आखात वाठारांतली सध्याची परिस्थिती पळोवन विदेश वेव्हार मंत्रालयान नियंत्रण कक्ष स्थापन केला. नियंत्रण कक्षांत सकाळीं 9 ते रातीं 9 मेरेन संपर्क सादू येता. 1800118797 (टोल फ्री), वा 011-2301 2113, 011-2301 4104 आनी 011-2301 7905 ह्या क्रमांकाचेर संपर्क करूं येता. ते भायर संघर्श वाठारांतल्या भारतीय दूतावासांनी सुरक्षेच्या उपायांचें समन्वय आनी लोकांक भायर काडपाक मजत करपा खातीर चौवीस वरा आपत्कालीन हेल्पलायन सेवा स्थापन केल्यात.

अमेरिकेच्या सिनेटान राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांच्या इराणआडच्या लष्करी मोहिमेक तेंको दिला. लष्करी कारवाय थांमोवपाच्या हेतान घेतील्ल्या द्विपक्षीय थारावाक सिनेट वांगड्यानी विरोध केलो.

अस्तंत आशियातलो संघर्ष वाडत आसा. अमेरिकेच्या पाणबुडीन श्रीलंकेतील गॅलेच्या दर्यादेगेलागसा

इराणची झूंजारी बोट आईरिस देनाचेर हल्लो केलो.

इराण नौदलाचे जहाज हिंद महासागरात बुडले अशें अमेरिकेचे संरक्षण सचिव पीट हेगसेथ हांणी म्हळा. तातूंत सुमार १८० खलाशी आशिल्ले. ८० कुडी भायर काडल्यात आनी ७८ जाण जखमी जाल्यात अशें श्रीलंकेच्या अधिकाऱ्यांनी म्हळा. मजगती, इस्रायलान तेहरानातल्या बासीज आणि अंतर्गत सुरक्षा कमांड सेंटराचेर हल्लो केला.

भारतीय हवामान खात्यान आयज दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, गुजरात आनी उत्तर कोंकण वाठारांतल्या खुपश्यां सुवातींनी उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास उक्तायला. शुक्रारा मेरेन ह्या वाठारांनी हवामानाची स्थिती अशीच आसतली. उत्तर अस्तंत भारतांतल्या जायत्या वाठारांनी ह्या सप्तकांत चडांत चड तापमान 4 ते 6 अंश सेल्सियस चड आसपाची शक्यताय आसा.

दादल्यांच्या आयसीसी संवसारीक टी-२० क्रिकेट वस्तादपण सर्तींत काल राती कोलकातात जाल्ल्या पयल्या उपांत्य फेरीयेतल्या खेळात न्युझीलंड पंगडान दक्षिण आफ्रिकेक ९ गड्यांनी हारयले. दक्षिण आफ्रिकेन दिल्ले १७० धावंड्यांचे मोख न्यूझीलंड पंगडान फकत १२.५ षटकांत पूराय केले. न्यूझीलंडच्या फिन ॲलन हांणे नाबाद शेकडो मारलो, तशेच टिम सेफर्ट हांणे ५८ धावंड्यो केल्यो. आयज मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमात भारत आनी इंग्लंड पंगडामदी दूसरो उपांत्य फेरीयेतलो खेळ जातलो. हो खेळ सांजे ७क जातलो.